# राजभवनार शेनवारा दिसा वनमहोत्सव मनयलो

ता. 24 जुलय 2023

राजभवनान शेनवारा रानां खात्याच्या जोड पालवान वनमहोत्सव मनयलो. राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई आनी तांची घरकांन्न श्रीमती रिता श्रीधरन हांणी राजभवन वाठारांत आंब्याची कलमां रोयलीं.

कार्यक्रमाक मुखेल सचीव पुनित कुमार गोयल, राज्यपालांचे सचीव एम. आर. एम. राव, प्रधान मुख्य रानपाल राजीव कुमार गुप्ता, अतिरिक्त प्रधान मुखेल रानपाल श्री. उमाकांत, मुखेल रानपाल प्रविण कुमार राधव, सौरभ कुमार, रानपाल श्रीमती यशोदा के., राज्यपालांचे अतिरिक्त सचीव संजीव गावस देसाय, रानां खातें आनी राजभवन कर्मचारी कार्यक्रमाक हजर आशिल्लें.

ह्या वेळार राज्यपाला हस्तुकीं लोकांक झाडांचे वाटप केले. पर्यावरणाचो सांबाळ करप ही प्रत्येक नागरीकाची जापसालदारकी आशिल्ल्याचे सांगून राज्यपालान लोकांक झाडांचे म्हत्व पटोवन दिवन लोकांक झाडां रोवपाक प्रोत्साहन दिवपाची गरज उक्तायली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/584

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.